गोंय सरकारान मागणी केल्या प्रमाण केंद्र सरकारान बंगळूरू - मडगाव मार्गाचेर वंदे भारत रेल्वेक मान्यताय दिल्या

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं फाल्या 29 तारखेक सांजेच्या 5.30 वराचेर पर्वरे येरादारी खात्याच्या नवीन मुखेल कार्यालयाचें उक्तावण जातलें

कोंकणीचे एक निश्ठावंत सेवक आनी कार्यकर्ते तशेच ओपिनियन पोल चळवळीत मोलाचे काम केल्ले सुहास दलाल हांका आयज सकाळी मरण आयले.

DSC AIFF जुनियर फुटबॉल शर्तीची निंनी साखळी फेरी ३ ते १४ मेक गोयांत जातली

Ganesh 90

गोंय सरकारान मागणी केल्या प्रमाण केंद्र सरकारान बंगळूरू - मडगाव मार्गाचेर वंदे भारत रेल्वेक मान्यताय दिल्या. ह्या रेल्वेक लागून पर्यटनासयत राज्याच्या अर्थ वेवस्थेक उर्बा मेळटली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी म्हणला. आस्वासना प्रमाण वंदे भारत रेल्वेक मान्यताय दिल्यान ताणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी केंद्र सरकारचे आभार मानल्या.केंद्रीय अर्थसंकल्पा पयली गोंय सरकारान विविध मागण्यासंबंधी केंद्राक निवेदन सादर केल्ले. हातूत गोंया खातीर वंदे भारत रेल्वेचो आस्पाव आशिल्लो. आस्वासन पुराय केल्यान हांव केंद्राचे उपकार मानता, अशे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी म्हणला. वंदे भारत रेल्वेक लागून प्रवासाची वेळ सरासरी 45 टक्के उणी जाता.

Dip 80

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं फाल्या 29 तारखेक सांजेच्या 5.30 वराचेर पर्वरे हांगाच्या नवीन बाजार प्रकल्पातल्या बिल्डिंग बी-1 च्या पयल्या माळ्यार गोंय सरकाराच्या येरादारी खात्याच्या नवीन मुखेल कार्यालयाचें उक्तावण जातलें. पर्वरेच्या नवीन कार्यालयांत वाहनांची नोंदणी, परमीट, वाहन परवानो आनी खात्याच्यो हेर सेवा सुरळीत जावपाक मजत जातली. तशेंच लोकांक ऑनलायन सेवांचोय लाव घेवपाक सोपे जातले.

कार्यालयाच्या उक्तावण कार्यक्रमाक येरादारी मंत्री. मॉविन गुदिन्हो, पर्यटन मंत्री. रोहन खंवटे, येरादारी सचीव महेश कुमार शंभू, येरादारी संचालक पी. प्रविमल अभिषेक आनी हेर अधिकारी आनी मानेस्त उपस्थित आसतले.

Ganesh 100

बोंडला अभयारण्यांत रानवटी जनावरां खातीर वर्साक 50 लाखाचे खाण लागतले. खाणा खातीर 50 लाखाची निविदा जारी जाल्या. ३५,४०६ हजार किल इतले खाण लागतलें. हातूंत २३,७२५ कील भाजी, ३७५६ कील फळां आनी ७९२५ कील बिफाचो आसपाव आसा. ह्या खाणा खातीर ५० लाख इतलो खर्च येवपाची शक्यता आसा.ह्या खाणांची पुरवण करपा खातीर निविदा जारी जाल्या.

बोंडला अभयारण्यांतल्या जनावरांक तशेंच वाटयल्ल्या जनावरांक बीफ, भाजीपालो ह्या सारकिल्ल्या नाशवंत खाद्यपदार्थांची पुरवण करपा खातीर उप वनपालेचे कचेरेन अर्ज मागयल्यात.

मेळिल्ले म्हायती प्रमाण सगळ्यात चड पुरवण ही भाजीपाल्याची आसा. हातूंत टमाट, तवशीं, दुधी, बटाट, पडवळ, गाजर, बीट, कोबी, भेंडें, कारातीं, तेंडलीं, मिरसांग हांची दर दिसाक ७५ किल इतली पुरवण जातली

Sushant 180

कोंकणीचे एक निश्ठावंत सेवक आनी कार्यकर्ते तशेच ओपिनियन पोल चळवळीत मोलाचे काम केल्ले सुहास दलाल हांका आयज सकाळी मरण आयले. तांची पिराय ८८ वर्सा आसली. फाल्या २९ एप्रिल दिसा सकाळी ११ वरांचेर कुस्मण केपे हांगाचे मसण भूयेत तांचे कुडीचेर निमणे संस्कार जातले.

तांणी केल्लो वावर तरनाट्यांक सदांकाळ उर्बा दितलो अश्या उतरांनी कोंकणी भाशा मंडळान आनी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन तांच्या मरणार दुख्ख उक्तायलां. सुहासबाबाचो कोंकणी खातीरचो वावर भोव मोलादीक. 'परमळ' ह्या नेमाळ्या वरवीं आनी आपल्या कुशळ संघटन कौशल्यान तांणी खेरीतपणान जनमत कौलाच्या काळांत आनी उपरांत केला तो वावर सदांच यादींत उरतलो. ते एक स्पश्ट वक्ते, निर्भीड आनी

निसुवार्थी वावुरपी कार्यकर्ते आशिल्ले. तशेंच लेखक, अनुवादक, संपादक म्हूण तांणी वावर केला.

विश्व कोंकणी केंद्राचो भोव प्रतिश्ठीत विमला वि. पै विश्व कोंकणी विशेष पुरस्कार तांकां फावो जाल्लो. गोवा कोंकणी अकादेमीचो शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, तशेंच कोंकणी भाशा मंडळाचो सेवा पुरस्कार फावो जाल्लो. अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन मडगांव घडून आयिल्ल्या 33व्या अधिवेशनांत तांच्या वावराची दखल घेवन तांचो भोवमान केल्लो.

कोंकणी भक्ती संगितांत तांणी केल्लो वावर मोलाचो. तांणी चवथी खातीर गणेशपुजा कोंकणींतल्यान बरोवन प्रकाशीत केल्ल्या.

कोंकणी भाशा मंडळ आनी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन तांच्या मरणान दुख्ख उक्तायलां.

Subhash 130

गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळान पयर जाहीर केल्ल्या एसएससी मार्च २०२६ परिक्षेच्या निकाला उपरांत कांय महत्वाच्या तारखांची घोशणा केल्या. सगळ्या मान्यताय पात्र माध्यमीक शाळांच्या मुख्याध्यापकांनी आयज सावन बोर्ड पोर्टला वयल्यान एकत्रीत निकाल पत्रक डावनलोड करचें अशें मंडळान कळींत केलां. विद्यार्थ्यांच्या नांवांत, जल्म तारखेत, विशयांत वा वर्गांत कसलीय चूक मेळ्ळी जाल्यार शाळा मुखेल्यान रोखडीच ईमेल वरवीं मंडळा कडेन संपर्क सादचो. आपल्या गूणांची खात्री करपाक वा परतून मूल्यमापन करपाक सोदपी विद्यार्थ्यां खातीर ऑनलायन अर्ज प्रक्रिया आयज सावन सुरू जाल्या.

जर एखाद्या विद्यार्थ्यान उत्तर पत्रिकेची छायाप्रत वा पुनर्मूल्यांकन करपा खातीर अर्ज केला जाल्यार ताका गैरहजेरींत गूण सत्यापना खातीर अर्ज करपाक मेळचो ना.
मार्च २०२६ धावेची परिक्षा पास जावंक नाशिल्ल्या विद्यार्थ्यांची दुसरी परिक्षा सुमार ६ जून २०२६ सावन सुरू जातली. ह्या परीक्षे खातीरचे अर्ज संबंधित शाळा

मुख्याध्यापका वरवीं सादर करचे अशें मंडळ सचीव विद्यादत्त बी नायक हांणी कळीत केलां.

Mahesh 120

गोंय वेवसायीक सुरक्षीतताय आनी भलायकी प्रदर्शन आनी शिखर परिशद 2026 ची दुसरी आवृत्ती फाल्यां बांबोली डॉ.श्यामा प्रसाद मुखर्जी इंडोर स्टेडियमांत सुरू जातली. 29 आनी 30 एप्रीलाक जावपी ह्या दोन दिसांच्या कार्यावळींत अधिक सुरक्षित गोया खातीर सुरक्षिततेच्या संस्कृतीक प्रोत्साहन दिवपाक उद्योगपती, धोरणकर्ते आणि सुरक्षा व्यावसायिकांकी एका समान व्यासपीठार एकठाय हाडटले. ह्या प्रदर्शनांत तज्ज्ञांची सत्रां, पॅनल चर्चा, थेट प्रात्यक्षिक आनी बी टू बी नेटवर्किंग संद आसतली. रस्त्याची सुरक्षीतताय, हवामान आनी भलायकी, उद्देगीक आनी उजो पालोवपाची सुरक्षीतताय, कामाच्या सुवातेर बरी भलायकी, कार्यक्षमताय आनी उद्देगीक नितळसाण अशे मुखेल वाठार लक्ष केंद्रीत करतले. ह्या शिखर सभेंत भेट दिवप्यांक थेट प्रात्यक्षिकांचो  अणभव घेवपाची संद मेळटली, कामाच्या सुवातेर सुरक्षीतताय आनी बऱ्यापणा विशीं नव्या विचारां विशीं शिकपाची संद मेळटली आनी वेगवेगळ्या उद्देगांतल्यान घटमूट सुरक्षेच्या मानकां कडेन वावुरपी वेवसायिकां कडेन संवाद सादपाची संद मेळटली अशें आयोजकांनी सांगलें.

SUSHANT 80

सेंट फ्रान्सिस झेवियर हांची निंदा करपी भाशण बरोवन दिल्ल्याच्या आरोपाखाला गोंय क्राईम ब्रँचान अटक केल्ल्या माधव खट्टर हाका वास्को न्यायालयान १० हजार रुपयांच्या जामिनाचेर मुक्त केलो. आयज ह्या अर्जाचेर वास्को न्यायालयात सुनावणी जाली. हे भाशण माधव खट्टर हाणे बरोवन दिल्ल्याचो एकय पुरावो पोलीस न्यायालयात सादर करूंक शकले नात. ह्याखातीर ताका जामीन मंजूर केलो अशी म्हायती खट्टर हाचे वकील ॲड. अमेय प्रभूदेसाय हांणी दिली. माधव खट्टर हो गौतम खट्टर हाचो भाव जावन आसा. कांय दिसा आदी गाय पुलिसानी ताका हरिद्वार हांगा अटक केल्ली.

Dip 60

कला आनी संस्कृती संचालनालय, "भारतीय लोक आनी आदिवासी नाच" नांवाच्या कार्यशाळे खाला, 29 एप्रिल 2026 दिसा सकाळीं 8:30 वरांचेर रविंद्र भवन, मडगाव

हांगा भारतीय लोक आनी आदिवासी नाचाचें निमाणें सादरीकरण घडोवन हाडटलें.कला आनी संस्कृती मंत्र रमेश तवडकर मुखेल सोयरे, कला आनी संस्कृती खात्याचे सचीव आनी हेर मानेस्त मुखेल सोयरे आसतले.कला आनी संस्कृती संचालनालयान 'एक भारत श्रेष्ठ भारत' पक्रमांतर्गत "भारतीय लोक आणि आदिवासी नृत्य" या विषयावर एका कार्यशाळेचे आयोजन केले;

Nsd 120

राष्ट्रीय मानवाधिकार आयोग (NHR) न देशातल्या उष्णतायेच्या ल्हारापासत असुरक्षित लोकसंख्येचे संरक्षण करपाक आदीच कारवाय करची आणि मदत उपाययोजनांची अंमलबजावणी करची, हे खातीर २१ राज्यांच्या आणि दिल्ली या केंद्रशासित प्रदेशाच्या मुख्य सचिवांक पत्र जारी केला. राष्ट्रीय आपत्ती व्यवस्थापन प्राधिकरणान राज्यांत जारी केल्या सध्याच्या मार्गदर्शक तत्त्वां प्रमाण, उष्णतेच्या ल्हारांचो प्रभाव कमी करपाक आणि जीवितहानी टाळ पाक केल्या कारवायेचो अहवाल आयोगान मागयला. एनएचआरसीन म्हणला की, उष्णतेच्या ल्हारांची परतपरत वाड, कालावधी आणि तीव्रता हाका लागुन फाव तो आसरो आणि संसाधनांच्या उणावान उपेक्षित, आर्थिकदृष्ट्या दुर्बळ घटक, घरा भायर काम करपी मजूर आणि बेघर लोकांचेर परिणाम जाता. आयोगान हाचेर भर दिला की, जाणटी, भुरगी अर्भका आणि नवजात भुरगी तीव्र उष्णतेच्या भलायकी विषयक परिणामांक खासा बळी पडतात आणि उष्णतेच्या हारांनी उपजीविकेचे नुकसान जावुक शकता तशेच उजाच्या अपघातांचो धोको वाढू शकता.

DIP 60

गोंय विद्यापिठाच्या पृथ्वी, समुद्र आनी वातावरणीय विज्ञान विभागान हवामान आनी तापमान शाखांतल्या कुशळ वेवसायिक/मनिसबळा खातीरची वाडटी जागतिक मागणी पुर्ण करपा खातीर वातावरणीय विज्ञानात विशेश एम.एससी. अभ्यासक्रम सुरू केला. हवामानात सध्या सतत आनी खर बदल जायत आसा. विद्यार्थ्यांक हवामानाचो अचुक अंदाज घेवपाक, हवामानाचे पृथक्करण आनी आपत्ती वेवस्थापना खातीर आवश्यक आशिल्लें शास्त्रीय गिन्यान आनी तांत्रिकी कुशळटाय दिवपा खातीर हो अभ्यासक्रम तयार केला.

Sports 20

DSC AIFF जुनियर फुटबॉल  शर्तीची निंनी साखळी फेरी ३ ते १४ मेक गोयांत जातली बांबोळेच्या अटल स्टेडियमचेर ३० आणि ३१ मेक तिसरी राष्ट्रीय बायला मास्टर्स एथलेटिक सरत जातली

वेदर  20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान ३४.२ अंश celcius आसतले जलयार किमान तापमान 23.८ अंश celcius आसतले

ANNCT 20

आकाशवाणी पणजी न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर नैमितिक पदा खातीर तात्पुत्या करारा खातीर अर्ज मागयता. पदवीधर आणि वय २१ ते ५० वर्सा मेरेन आसपाक जाय अर्ज करपाक निमणी तारीख 17 मे आसा